**प्रसादाची वेवस्था आशिल्ल्या प्रार्थनास्थळांखातीर BHOG प्रमाणपत्र आवश्यक**

**ता. 7 जुलय 2022**

प्रार्थनास्थळांचेर उत्कृश्ट दर्जाचे अन्न (प्रसाद) दिले वतले, हाची खात्री करपा खातीर भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान प्रार्थनास्थळांखातीर BHOG प्रमाणीकरण (आनंद दिवपी हायजेनिक देवोपहार) आवश्यक केला, अशें अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान कळीत केला. प्रार्थनास्थळांनी 'प्रसाद' तयार करतना आनी तो भाविकांक दितना अन्न सुरक्षा आनी नितळसाणीक पाळो दिवप, तशेंच अन्न हाताळपी मनशांक अन्न सुरक्षा आनी नितळसाणीचे मुळावें प्रशिक्षण दिवप हो प्रमाणीकरणाचो उद्देश आसा.

"भलायकेक बरे आनी योग्य ते खायात" ह्या मोहिमेखातीरय प्रमाणीकरण आवश्यक आसा. प्रार्थनास्थळांचे यशस्वी ऑडिट केल्या उपरांत अशें प्रमाणपत्र/प्रमाणीकरण मेळटा. अशें प्रमाणीकरण प्रार्थनास्थळांसयत राज्याकय सुरक्षीत अन्न संस्कृतीबाबतीत प्रतिश्ठा मेळोवन दिता.

प्रसादाची वेवस्था आशिल्ल्या सगळ्यां प्रार्थनास्थळांनी BHOG प्रमाणपत्र मेळोवचे असो सल्लो प्राधिकरणान दिला. ह्या खातीर पयली FSSAI नोंदणी प्रमाणपत्र प्राप्त करप आवश्यक आसा आनी त्या खातीर 30 जुलय 2022 मेरेन आवश्यक सोपस्कार पुर्ण करपाची गरज आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/452

-

-

-

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji